## मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं  लेखा भवन इमारतीचो बुन्यादी फातर बसयलो

ता. 26 जानेवारी 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज भारतीय प्रजासत्ताक दिसाच्या शुभ प्रसंगार पर्वरी हांगा लेखा संचालनालयाच्या नवीन “लेखा भवन” इमारतीचो बुन्यादी फातर बसयलो. लेखा भवनाची चार माळ्यांची इमारत आठ म्हयन्यांच्या मुजतीत सुमार 38.75 कोटी रूपया खर्च करून उबापात येतली. इमारतीचे बांदकाम क्षेत्र 10,670.00 चौ. मी. आसतले. इमारतीत लेखा खात्याच्या प्रशासकीय विभागांसयत प्रशिक्षण हॉल, कँटीन, बँक, एटीएम आनी पार्किंग सुविधा आसतली.

बुन्यादी फातर बसोवपाच्या सुवाळ्याक गोंय साधनसुविधा उदरगत महामंडळाचे उपाध्यक्ष आनी आमदार श्री. ज्योशुआ डिसोजा, पर्वरीचे आमदार श्री. रोहन खंवटे, मुखेल सचिव श्री. परिमल राय, प्रधान वित्त सचिव श्री. पुनितकुमार गोयल, उत्तर गोंय जिल्हा पंचायत अध्यक्ष श्री. कार्तिक कुडणेकर, पेन्ह-द-फ्रान्सच्यो जिल्हा पंचायत सदस्य श्रीमती कविता गुपेश नाईक,  पेन्ह-द-फ्रान्सचे सरपंच श्री. स्वप्नील चोडणकर, लेखा संचालक श्री. दिलीप हुम्रस्कर आनी हेर अधिकारी हाजिर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान लेखा खाते सरकारी प्रशासनाचो म्हत्वाचो विभाग आशिल्ल्याचे सांगून सरकारी आर्थिक वेव्हार सांबाळपी ह्या विभागांत नवीन तंत्रज्ञानासयत डिजिटलायजेशन, ई-कॉमर्स अशों आधुनिक सुविधा आसप गरजेचे आशिल्ल्याचे सांगले.

सध्या लेखा खात्याचे काम चलपी इमारत खुप पोरणी आसून ती खात्याखातीर अपुरी पडटा. नवीन इमारत पुर्ण जाले उपरांत खात्याच्या कर्मचाऱ्यांक सोयिस्कर जातले आनी पोशक वातावरणात काम करपाक मेळटले, अशें मुख्यमंत्र्यान म्हणले.

आमदार श्री. ज्योशुआ डिसोजा, आमदार श्री. रोहन खंवटे हांचेय ह्यावेळार उलवप जाले.

सुरवातीक लेखा संचालक श्री. दिलीप हुम्रस्कर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. लेखा अधिकारी श्रीमती दिप्ती वागळे हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. उपसंचालक श्री. उल्हास नाईक हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/119

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji